## राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात मुख्यमंत्र्यान राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन स्वातंत्र्य सैनिकांच्या उगडासाक आर्गां ओपली

ता. 19 डिसेंबर 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी  आयज ताळगांव पठाराचेर गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो.

ह्या वेळार जनतेक उद्देशून उलयतना मुख्यमंत्र्यान पोर्तुगीज राजवटीतल्यान गोंयांक मुक्त करपा खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आनी हुतात्म्यांक नमन करून तांच्या उगडासाक आर्गां ओपली.

मुक्ती उपरांत गोंय राज्यान केल्ल्या उदरगतीचो नियाळ घेतना मुख्यमंत्र्यान सांगलें, गोंयचें पयले मुख्यमंत्री सर्गेस्त दयानंद बांदोडकर हांणी गोंय राज्याच्या विकासाची बुन्याद घातली आनी उपरांत आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रिकर हांच्या दुरदृश्टी नेतृत्वाखाला गोंय राज्याच्या  आधुनिक विकासाक गती दिली. देशाच्या स्वातंत्र्या उपरांत गोंय राज्य 14 वर्सां उपरांत परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जावन लेगीन गोंयान शिक्षण, भलायकी, साधनसुविधा आनी हेर सगळ्या मळार भरीव उदरगत केल्ली आसा. राज्यान 100 टक्के साक्षरतायेचे उद्दीश्ट पुर्ण केल्ले आसा. हर घर जल मिशन यशस्वी करून प्रत्येक घराक पिवपाच्या उदकाचे कनेक्शन पावयिल्लें आसा, अशें तांणी सांगलें.

राज्य सरकार समाजातली एकजूट, सलोखो आनी शांतीकायेचे राज्य म्हूण गोंयची वळख सांबाळून दवरपाक वचनबद्द आसा. तशेंच साधनसुविधांचो विकास करतना गोंयचो सैम, सोबीतकाय आनी संस्कृतीचो सांबाळ करपाक सरकार प्राधान्य दिता. गोंयचे लोक सरबराये खातीर फामाद आसून गोंयांत येवपी पर्यटकांक अतिथी देवो भव च्या भावनेन येवकारतात, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

ह्या वेळार उजो पालोवपी दळाचे अधिकारी श्री नीलेश फर्नांडिस, श्री अनिकेत अनंत आमोणकर आनी श्री जंगा आर. गोहर हांका उत्कृश्ट  सेवेसाठी मुख्यमंत्री अग्निशमन सेवा पदक प्रदान केले. श्री अविनाश यू. गावकर हांका मुख्यमंत्री अग्निशमन सेवा शौर्य पदक प्रदान केले.

उपअधिक्षक श्री सागर पी. एकोस्कर, श्री राजेश कुमार, महिला पुलीस निरीक्षक श्रीमती सुदीक्षा एस. नाईक, एएसआय श्री सुभाष आर. मालवणकर, एचसी श्री भालचंद्र व्ही. सावंत, श्री मेल्विन डायस, पीसी श्री अमरदीप चौधरी हांका मुख्यमंत्री पुलीस पदक जाल्यार  होमगार्ड ड्रायव्हर श्री रामा जी. कांबळी, महिला होमगार्ड स्वयंसेवक विद्या यू. तलवार, सिव्हिल डिफेन्स वॉर्डन श्री रूपेश वाय. पर्वतकर, अॅड. हर्षा नाईक हांका  मुख्यमंत्री  गृहरक्षक पदक प्रदान केले.

सुवाळ्याक महसूलमंत्री श्री. आतानासियो मोन्सेरात, विरोधी पक्ष फुडारी श्री. युरी आलेमांव, मुख्य सचीव डॉ व्ही कांडावेलू, एडव्होकेट जनरल देवीदास पांगम, हेर सरकारी सचीव, अधिकारी, विद्यार्थ्यी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/973

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.